STORY

९ मायनिंग ब्लोकापैकी ३ ते ४ मायनिंग ब्लोकांची पावणी संप्टेंबर ते ओक्टोबर अशे मुखेलमधी म्हयन्यामेरे जावपाची शक्यताय आसा मुख्यमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी मायनिंग ब्लॉकाच्या • संदर्भात बसका घेवन हे विंशीचो आयन नियाळ घेतलो. ह्यावेळार खण संचालनालयाचे अधिकारी, णवुय मायिंग ब्लोकांचे लीज धारक, गोंय प्रदुशण नियंत्रण मंडळ, रान खाते, पर्यावरण खात्याचे अधिकार हाजीर आशिल्ले जाता तितल्या बेगीन हे विंशीचे सोपस्कार पुराय मानिंग ब्लॉक चालीक लावपाची करुन हे सरकाराची मोख आसा / हे शिवाय शिरगांव वाठारातले देवी लुईराईचे देऊळ तशेंच थळाव्या लोकांची घरा आश्मिलो वाठार मायनिंग वण ब्लॉकातल्यान वगळचो असो आदेश मुख्यमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी अधिकाऱ्यांक दिला.

STORY

कैंद्रिय वीज राज्य मंत्री श्रीपाद नायक हांणी ऑयज आपल्या पदाची औपचारीक रित्या ताबो घेतलो. ते उपरांत आयेज दिल्लीत वीज उ० मंत्रालयाच्या अधिकाऱ्यावांगडा बसका घेतली. / ह्यावेळार कैंद्रिय वीज मंत्री मनोहर लाल खट्टर हाजीर आशिल्ले. ऊर्जा आनी ऊर्जा पावर ॲण्ड रिन्युबेवबल एनर्जी मंत्रालायत काम करपासारखे खुप आसा वीज मंत्रालयावरवी देशाचे उद्देग तशेंच हेर मळाक उर्बा दिवपाक किते काम करु येता ते विंशी आयच्या बसकेत चर्चा जाल्यो. हे शिवाय रिन्यूवेबल एनर्जीचो चडन चड उपेग कसो करप हे विंशी लेगीत चर्चा जाली. वीजेच्या उणावाखातीर खंयचीच कामा उरपाक जायना. तशएचं समाजातल्या सगळ्या * घटकाकं वीज पुरवण जावपाक जाय ही मोख दवरुन हो कार्यभार आपुण सामाळटलो अशें उत्तर गोंयचे खासदार श्रीपाद नायक हांची बीज मंत्रालयाचे राज्य मंत्री म्हण नेमणुक जालाना तांच्या ह्या पदाची गोंय राज्याक निश्चीतुच फायदो जातलो असो विस्वास मुख्यमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी व्यक्त केला. मुक्तायलया

गोंय वीज निर्मिती जा ायना. ताका लागून राज्याचे वीजेचे प्रस्न सुटावे करपाक श्रीपाद नायक हांची व्हड मजत जातली गोयांत असच उर्जेची ले रिव्युबेवल एनर्जींचो विविध प्रकल्पात चालीक लायला सोलर एनर्जी तशेचं हेर पर्यावरण पुरक आनी रिन्हयवेबल हरीत माध्यमातल्यान उर्जा निर्मिती करपाक सरकार प्राधान्य म्हत्व दिता अशें मुख्यमंत्र्यान म्हणला.

STORY

बाणावली जिल्हाळे पंचायत पोट वैचणुकेखातीर आर्यज आम आदमी पार्टीचे उमेदवार म्हूण जोजफ पिमेन्ता हांणी आयज उमेदवारी अर्ज भरलो ध्यावेळार आपाचे बाणावलीचे आमदार वेंझी व्हिएगस, बार्णावलीचे आदले जिल्हा पंचायत वांगडी हेन्जल फर्नांडिस आनी हेर वांगडी हाजीर आशिल्ले. हेन्जल फर्नांडिस हांकां जाती दाखल्यावयल्यान अपात्र थारायल्या उपरांत रितो जाल्लो जागो भरुन काडपाखातीर २३ दिसा मतदान जावपाचे आसा. तीर/ जून ह्या इतले मजगती, पिमेन्ता हांणी इंडि आघाडीचे उमेदवार म्हूण उमेदवारी अर्ज भरला अशें काँग्रेस, आप आनी गोवा फॉरवर्ड ह्या पक्षांसयत ह्या आघाडीच्या हेर वांगड्यांनी जाहीर केलें. उमेदवारी अर्ज भरपाच्यावेळार विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव, आपचे राज्य अध्यक्ष अमित पालेकार गोवा फॉरवर्डचे सरचिटणीस दुर्गादास कामत हाजीर आशिल्ले.

STORY

सांतइनेज पणजेच्या ताड माड देवळा लागसारच्या स्मार्ट सिटी कामाची कोसळील्ली सुवात आतां नियंत्रणांत आसा अशें अधिकाऱ्यांनी सांगले. पावसाच्या वाडिल्ल्या उदकाचो झोत उणो करपा खातीर उदक काडपाचे पंप वापरल्यात आनी राखणे /3 वण्टी स्थीर करपा खातीर आपत्कालीन पद्धतीचो वापर केला / L अशें स्मार्ट सिटी अधिकाऱ्यांनी सांगला. नव्यान बांदिल्ल्या राखणे वण्टीचो सुमार / १० मीटर लांब भाग कोसळ्ळो, तेन्ना मुखेल गटाराक पायप घालपाचें काम चालू आशिल्लें सेगीत पडपी पावसाक लागून ह्या कामांत आडमेळी येताली. दर्याक ( भरती आसता तेन्ना उदकाची पातळी वाडपा सयत काम करप शक्य जायना अशेंय अधिकाऱ्यांनी स्पष्ट केलें. ताड माड ते टोंक मेरेनचो सांत

इनेज रस्त्याचो वाठार भौशीक वापरा खातीर बंद केला अशेंय स्मार्ट सिटी अधिकारीणीन कळीत केला.

STORY

गाँय राज्य जैविक विविधताय मंडळान जैविक विविधताय सांबाळ पुरस्कार 2024 खातीर अर्ज मागयल्यात. जैविक विविधताय सांबाळ पुरस्कार पाच वर्गानी दितात. जैविक विविधताय वेवस्थापन समिती- उत्तर आनी दक्षीण गाँय प्रत्येकी एक वैयक्तिक वर्ग- उत्तर आनी दक्षीण गोंय प्रत्येकी एक जैविक विविधताय संशोधन क्षेत्र- एक पुरस्कार जैविक विविधताय वाटोवप आनी पुर्नज्जीवन आनी संबंदीत क्षेत्रांतली वावर एक पुरस्कार आनी हरीत पत्रकार-एक, अशां वर्गात पुरस्कार दितात. क. अशां ह्या नामांकन अर्ज मंडळाच्या goabiodiversity@gmail.com वेबसायटीचेर उपलब्ध आसून ते भरून गोंय राज्य जैविक विविधताय मंडळ, साळगांव सेमिनारी सामकार, साळगांव बार्देस गोंय-403511 हांगा सुपुर्द करचे चेर करचे. वा goabiodiversity@gmail.com वा goagsbb@gov.in या नामांकन अर्ज स्विकारपाची निमाणी तारीख 15 जुलय 2024 आसून निमण्या दिसा सांजेची 4.30 मेरेन अर्ज गोंय राज्य जैविक विविधताय मंडळाच्या कार्यालयांत पावपाक जाय. चड म्हायती खातीर https://gsbb.goa.gov.in/ या वेबसायटीचेर भेट दिवची. देवची./